Aakashwani Panaji Regional 7.25 am 23 January 2025

केंद्रीय वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी 2030 मेरेन 10,000 भौगोलिक संकेत (जीआय) टॅग मेळोवपाचें ध्येय थारायलां.नवी दिल्लींतल्या जीआय समागमाक मार्गदर्शन करतना तांणी, हें लक्ष्य, पुराय सरकारी पद्दतीन साध्य जातलें, आनी हाचेर देखरेख दवरपा खातीर सरकार एक समिती तयार करतलें अशे सांगलें . खात्यान आयज मेरेन जारी केल्ल्या जीआय टॅगांचो आंकडो 605 आसा अशी म्हायती तांणी दिली.बौध्दिक संपत्ती पर्यावरण प्रणालीक (आयपीआर) पर्यावरण प्रणालीक चालना दिवपा खातीर प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदीच्या काळांत सरकारान केल्ल्या यत्नांचेर मंत्रीन भर दिलो. फाटल्या 10 वर्सांत जीआय टॅग खातीर अधिकृत वापरप्यांची संख्या वाडली आनी दिल्ल्या पेटंटांची संख्या 6000 वयल्यान एक लाख मेरेन वाडली. प्रधानमंत्रीन दिल्ल्या 'विकास भी और विरासत भी' हे कल्पनेचेर भर दितना मंत्री गोयलान आपल्या 'मन की बात' रेडिओ कार्यावळींत वेगवेगळ्या उत्पादनांचो उल्लेख करपा सयत प्रधानमंत्रीच्या सतत यत्नांचेर भर दिलो.आयपीआर पर्यावरण प्रणाली घटमूट करपाच्या सरकाराच्या यत्नांचेर उलयतना मंत्रीन अनुसंधान नॅशनल रिसर्च फावंडेशन फंड आनी वन डिस्ट्रिक्ट वन प्रोडक्ट (ओडीओपी) येवजणेचो उल्लेख केलो. जीआय उत्पादनांचें बरे तरेन ब्रँडींग करपाची गरज आसा हाचेरय तांणी भर दिलो. बऱ्या दर्ज्याचे मानक सुनिश्चीत करपा खातीर FSSAI आनी BIS हांचे कडेन सहकार्याची गरज आसा अशें तांणी सांगलें. उद्देग आनी अंतर्गत वेपार प्रसार खात्यान DPIIT ही कार्यावळ घडोवन हाडली.

मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज केंद्रीय पर्यावरण, रान आनी हवामान बदल खात्याचे मंत्री भूपेंद्र यादव हांची दिल्लीत भेट घेवन तरेकवार विशयांचेर चर्चाकेली. केंद्रीय पर्यावरण मंत्री भूपेंद्र यादव हांचे कडेन सी झेड एम पी २०१९ आनी ई एस ए अधिसूचवणे विशीं चर्चा केल्ल्याची म्हायती मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी व्टिट करून दिली. दरयादेग वेवस्थापन आराखडो २०१९ बेगीनूच निश्चीत करचो, पश्चीम घाट जैव संवेदनशील वाठार अधिसुचवणेंतल्यान २१ गांव भायर काडपाची मागणी अशी मागणी भेटी वेळार केली. केंद्रीय पर्यावरण आनी रान मंत्रालयाचे तज्ज्ञ समितीन नोव्हेंबरांत राज्याक भेट दिवन गांवांची पळोवणी केल्ली. तशेंच तज्ज्ञ समितीन मुखेलमंत्री आनी हेर अधिकाऱ्यां कडेनूच चर्चा केल्ली. उपरांत आयज मुखेलमंत्र्यांनी प्रत्यक्ष केंद्रीय पर्यावरण मंत्र्यांकडेन ह्या विशयाचेर चर्चा केली. जी २१ गांवा भायर काडपाची मागणी जाता, तातूंत सत्तरीतले १२, धारबांदोडें म्हालांतले ५, सांगेंचे ३ आनी काणकोणच्या १ गांवाचो आसपाव आसा. फाटल्या ऑगस्टांत जारी केल्ल्या इएसए अधिसुचवणेच्या मसुद्यांत १०८ गावांचो आसपाव केल्लो. हातुंतल्यान २१ गांव वगळावचे अशी गोंयची मागणी आसा.

---

कलेची पुजा करपी कलाकारंची नवी पिढी घडपाक जाय.हे खातीर तांका ज्येष्ठ कलाकारंचे मार्दर्शन लेगीत मेळपाक जाय अशे मत कला आनी संस्कृती मंत्री गोविंद गावडे हांणी व्यक केला. ते कला अकादमीत कला आनी ससंकृती खात्यावतीन आयोजित कला गौरव आनी कला वृध्दी पुरस्कार भेटवण सुवाळ्यावेळार उलयताले. कलेप्रती सर्मपण आशिल्लो कलाकार कला अजरामर करता, कलाकारक तांच्या कलेच्या योगदानातल्यान संस्कृताय जपतात ती तिगोवन दवरपाक व्हड योगदान दिता अशें कार्यावळीचे मानाचे सोयरे आमदार प्रेमेंद्र शेट हांणी म्हणला. ह्यावेळार, कला आनी संस्कृती खात्याचे सचिव सुनील अंचिपिका, पुरस्कार निवड समितीची अध्यक्ष कमलाकार म्हाळशी आनी पैर्णिमा केरकार, कला आनी संस्कृती खात्याचे संचालक सगुण वेळीप हाजीर आशिल्ले. मंत्री गोविंद गावडे हांच्या हस्तुकी ह्यावेळार कलाकारांक पुरस्कार भेटयले.

प्रजासत्ताक दीस २०२५ च्या उत्सवाचो एक भाग म्हूण संरक्षण मंत्रालयान नवी दिल्लीच्या राष्ट्रीय नाट्य शिबिरांत आयोजीत केल्ल्या नाच सर्तींत गोंय राज्यान दिवली नृत्यच्या सादरीकरणा खातीर पयलें इनाम मेळयलें.

मुरगांव बंदरातल्यान चार पदरी उड्डाण पुलाचें उक्तावण जावन २४ वरां जावचे पयलीच मुरगांव बंदर प्रधिकरणान बायणा हांगा राखणें वणत आनी गेट घालून पुलाकडे वचपी मार्ग आडायल्ल्यान थाळाव्यांनी मुखार येवन काम बंद उडयले.

बायणाच्यान पुलाक जोडपी मार्गाचेर राखणें वणत उबारून गेट घालपाच्या कामाक सुरवात केल्या उपरान्त वातावरण तापले. ह्यावेळार नगराध्यक्ष गिरीश बोरकार तशेंच आदले नगराध्यक्ष दिपक नायक, लिओ रॉड्रिगीस, दामोदर कासकर आनी पालिका वांगडी प्रजय मयेकर सुवातेर पावले. नगरध्यक्षान चौकशी केली तेन्ना एम.पी.ए. चे अधिकारी सारकी जाप दिना तें पळोवन काम बंद दवरपक लायलें.